# **पणजे पोरण्या सचिवालयात “कल्पक” प्रदर्शनाचे आयोजन**

ता. 25 फेब्रुवारी 2020

उच्च शिक्षण संचालनालयान पणजेच्या पोरण्या सचिवालयात ता. 26 ते 28 फेब्रुवारी 2020 मेरेन विज्ञान, अभियांत्रीकी, कला आनी समाजशास्त्रातल्या नाविन्यपूर्ण प्रकल्पांचे “कल्पक” हे तीन दिसांचे प्रदर्शन आयोजीत केला. हे प्रदर्शन लोकांखातीर तीन दीस सकाळी 10.00 ते सांजवेळा 5.00 मेरेन उकते आसतले.

महाविद्‌यालयांच्या विद्‌यार्थांनी तयार केल्ले मॉडेल्स आनी पोस्टरांतल्यान रिसर्च प्रकल्पांची कल्पक प्रदर्शनात मांडटले. तशेंच संशोधन प्रकल्पांच्या माहितीचे दिवपघेवप आनी व्याख्यानां जातली.

विद्‌यार्थांक आपली कुशळताय दाखोवपा खातीर व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवप हो ह्या प्रदर्शनाचो उद्देश आसा. ता. 26 फेब्रुवारीक ग्वालेरच्या जिवाजी पिद्‌यापिठाचे आदले उपकुलगुरू प्रो. व्ही. सक्सेना हांचे “जीवशास्त्राच्या जगात गणीत” ह्या विशयाचेर, ता. 27 फेब्रुवारीक BITS-Goa चे डॉ. देबाशिश पटनायक हांचे “गोंयातली शिक्षणीक आनी सामाजीक-अर्थीक सुदारणा” ह्या विशयाचेर आनी ता. 28 फेब्रुवारीक उच्च शिक्षण संचालनालयाचे डॉ. विठ्ठल तिळवी हांचे “विश्वातली अजापा” ह्या विशयाचेर व्याख्यान आसतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/176

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA